# भूंयगत उदका स्त्रोतांच्या विकासाखातीरच्या राज्य पांवड्यावयल्या समितीची बसका जाली

ता. 15 सप्टेंबर 2023

भारत सरकारच्या जलशक्ती मंत्रालयाच्या केंद्रीय भू-जल मंडळावतीन नेमान राज्यांतल्या भूंयगत उदका स्त्रोतांचे मूल्यांकन करपात येता. भूंयगत उदका स्त्रोतांच्या विकासाखातीर अशा मुल्यांकनाची गरज आसा.

गोंय राज्यांतल्या जमनीपोंदच्या उदकाचे मुल्यांकन, भूंयगत उदका स्त्रोतांचो विकास आनी हेर संबंदीत विशयांचेर चर्च करपा खातीर राज्य पांवड्यावयल्या समितीची बसका हालीच सिंचाई भवन, उदकास्त्रोत संचालनालय पर्वरी हांगा उदकास्त्रोत संचालनालयाचे सचीव श्री सुभाष चंद्रा हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली.

बसकेक उदकास्त्रोत संचालनालयाचे मुख्य अभियंता श्री पी बी बदामी, केंद्रीय भू-जल मंडळाच्यो वैज्ञानिक श्रीमती संगीता भट्टाचार्य आनी हेर अभियंते उपस्थित आशिल्लें. श्रीमती संगीता भट्टाचार्य हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्याक येवकार दिवन देशातल्या भू-जल संसाधन मूल्यांकन उपक्रमांची म्हायती दिली. वैज्ञानिक श्री राहुल आर. शिंदे हांणी भू-जल संसाधन मूल्यांकनाचे सादरीकरण केले. केंद्रीय भू-जल मंडळाचे कार्यकारी अभियंते श्री मंजू हांणी निमाणे उपकार मानले.

केंद्रीय भू-जल मंडळ आनी गोंय सरकारच्या उदकास्त्रोत संचालनालयान संयुक्तपणान केल्ल्या भू-जल संसाधन मूल्यांकन - 2023 क राज्य पांवड्यावयल्या समितीन मान्यताय दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/728

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.